Panaji Regional 16th August 2025 7.25am

CM – 245

राज्याची सर्वांगीण उदरगत करपा खातीर सरकार कटिबद्ध आसा. राज्याचो उज्ज्वल, सुरक्षीत फुडार मतींत दवरून सरकार राज्याक आत्मनिर्भर करपा खातीर दरेका क्षेत्रांत पावलां उबारता अशें मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हाणी काल पणजेत पोरने सचिवालय हांगा भारताच्या ७९ व्या स्वातंत्र्यदिसाच्या उत्सवानिमतान तिरंगा हुबयले उपरांत उलयतना सांगले. राज्याची अर्थीक उदरगत व्हड उद्देगांचेर आदारून आसा आनी देखून गुंतवणूक प्रोत्साहन मंडळा वरवीं राज्यांत रोजगार निर्माण करपी हरित उद्देगां खातीर दारां उक्तीं दवरल्यांत अशें सरकाराचें मत आसा अशें तांणी मुखार सांगलें. डबल इंजिन सरकाराक लागून भलायकी, शिक्षण, खेळां उद्देग आनी हेर मळार घटमूट मुळावी बांदावळ तयार करपाक सरकाराक येस आयलां अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें. प्रशासनाक लोकांच्या दारांत व्हरपाचे सरकाराचे यत्न सुरू आसात. गोंयच्या लोकांची आस्त आनी आकांक्षा फुडाराक विकसीत भारताची बुन्याद तयार करतली. हॉस्पिटॅलिटी उद्देग क्षेत्रा खातीर कुशळ मनीसबळ दिवपा खातीर गोंयभरांतल्या 13 आयटीआय वरवीं वेगवेगळे अभ्यासक्रम चालीक लायल्यात. बायलां सशक्तीकरणा खातीर आरडीए खात्या वरवीं वेगवेगळी येवजण चालीक लायल्या.

गोंयच्या आदिवासी समाजाक जायतीं वर्सां जमनीचे मालकी हक्क पासत वंचित दवरील्ले जे आता सरकारान मंजूर केले. ते भायर राज्याचे उदरगतींत तांची म्हत्वाची भुमिका मतींत घेवन खासा पगार वाडी सयत तात्पुरतो दर्जो दिला. शाळां खातीर फावो ती मुळावी बांदावळ दिवपाचे वचनबद्धतेचेर भर दितना मुख्यमंत्र्यान सांगलें, कुजिरा शाळा संकुलाच्या अनुरूप मडगांवांत शाळा संकुल बांदपाचो सरकाराचो हेतू आसा. अशे तांणी सांगले byte cm

उपरांत मुख्यमंत्र्यान वेगवेगळ्या विशयांतल्या पुरस्कार विजेत्यांक त्यांच्या गुणवंत सेवेखातीर सन्मानित केले.

महसूल मंत्री अतनासिओ मोन्सेरात, राज्यसभा खासदार सदानंद शेत तनावाडे, विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव , सांत क्रूझचे आमदार रुडोल्फ फर्नांडीस, वेगवेगळ्या सरकारी खात्यांचे मुखेली, स्वातंत्र्य झुजारी, नामनेचे नागरिक आनी हेर मानेस्त हे कार्यावळीक हाजीर आशिल्ले.

सुशांत 110

मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांणी काल मडगावा माथानी साल्द्याना प्रशासकीय संकुलात, स्वातंत्र्य दीसा निम्तान राष्ट्रीय तिरंगो हुबयलो. ह्या वेळार उलयतना कामत हांणी भारताच्या स्वातंत्र्या खातीर आपलो प्राण ओपपी स्वातंत्र्य झुजाऱ्यांक श्रद्धांजली ओपली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या घटमूट फुडारपणाखाल भारत सर्वांगीण उदरगतीच्या मार्गाचेर आसा.

गरीब कल्याण येवजणे खाला सुमार 80 कोटी लोकांक फुकट अन्नधान्य दिवपी भारत हो पयलो देश जाला जो चडांत चड लोकांक फुकट रेशन दिता. आयुषमान भारत येवजण वरवि 12 कोटी कुटुंबांतल्या सुमार 55 कोटी नागरिकांक हे येवजणेचो लाव मेळटा तांणी सांगलें. देशाच्या प्रधानमंत्र्यांच्या पावलांचेर पावल दवरून राज्याचो आनी राज्यांतल्या लोकांची उदरगत करपाचें ध्येय मतींत दवरून राज्याचे मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंतय उत्कृश्ट काम करतात अशे कामत हाणी सांगले.

Bicholim – 50

दिवचल तालुक्यात काल स्वातंत्र्य दिसाच्या निमतान वेगवेगळ्या भागानी तरेकवार कार्यावळीचें आयोजन जालें. मुखेल कार्यावळ दिवचलच्या श्री छत्रपती शिवाजी खेळा मळाचेर जाली. या सुवाळ्याक दिवचलचे नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्ले. त्याच प्रमाण साखळे,मुळगाव दिवचल ,मये भागांनी, पुलीस स्टेशन ,सरकारी कार्यालयात तशेच शैक्षणिक संस्थांनी स्वातंत्र्य दिसाच्या निमतान तरेकवार कार्यावळीचे आयोजन जालें.

Dip 25

समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाई हाणी काल केप्या राष्ट्रध्वज हुब्य्लो. देशातल्या युवकांमदी राष्ट्राक प्रत्येक क्षेत्रात सक्षम करपाची प्रचंड क्षमता असा अशे तांणी म्हणले.

रश्मी 45

गोंय कॉंग्रस पक्षावतीन काल पणजे कॉंग्रेस हावसा मुखार स्वतत्रदिसाची कार्यावळ जाली. ह्यावेळर प्रदेश अध्यक्ष अमित पाटकार हांणी तिरंगो हुबयलो. ह्या कार्यावळीक कॉंग्रेसीच्यो राश्ट्रीय सचिव तशेंच गोंय प्रभारी अंजली निंबाळकर,

विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव, आमदार कार्लोस फरेरा, कॉंग्रेसीचे फुडारी विजय भिके, तशेंच कॉंग्रेस पक्षाचे कार्यकर्ते हाजीर आशिल्ले.

Weather – 30

आज कोकण आनी गोयांत सामको घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला. आज राज्यांत चडांत चड तापमान 29 degrees celcius जाल्यार उण्यात उणे तापमान 24 degrees celcius आसपाचो अदमास गोय वेधशाळेन उक्तायल्या.

Sports – 30

चेन्नयांत जाल्ल्या क्वांटबॉक्स चेन्नय ग्रॅण्ड मास्टर्सांत निमाणे फेरयेंत हारून लेगीत भारतीय ग्रॅण्डमास्टर एम प्रणेशान चॅलेंजर्सचो खिताब मेळयलो जाल्यार विंसेंट कीमरान रे रॉबिन्सनाचेर सहज जैत मेळोवन मास्टर्स विभागांत पयलो खिताब मेळयलो.